**<u>राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दिवाळीची परबीं</u>**

ता. 3 नोव्हेंबर 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी दिवाळीच्या उमेदीच्या प्रसंगार गोंयच्या लोकांक मनाकाळजासांवन उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दिवाळी हो दिव्यांचो उत्सव जात-पात वा धर्म भेदभाव करीनासतना देशभर व्हडा उमेदीन आनी मौज-मजेन मनोवपात येता. दिवाळीच्या सद्‌गुणांचो उजवाड वायट शक्तिंक पयस करता. हो उजवाड आमकां बऱ्या कामाची ओड लायता आनी आमकां ईश्वराच्या लागीं हाडटा. त्याच बरोबर हो ईश्वरी उत्सव आमच्या देशाची एकता आनी अखंडतायेची भावना मजबूत करता.

ह्या वर्सा दिवाळी उत्सवाच्या भव्यदिव्य उजवाडान आमची जीण शांतीकाय, भरभराट आनी खुशालकाये सयत प्रकाशमय जांव, अशें राज्यपालान आपल्या संदेशात म्हणला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/916

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji